**<u>प्लाझ्मा दानाविशीं जागृताय करपाची गरज- मुख्यमंत्री</u>**

ता. 2 सप्टेंबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कोरोना दुयेंसातल्यान बरे जाल्ल्या लोकांमदी प्लाझ्मा दान करपाविशीं जागृताय करपाची गरज उकतावन राज्यातल्या सगळ्यां कोवीड कॅअर सेंटरांतल्या दुयेंतीक बरे जेवण आनी नितळसाण सुविधां दिवपाचेर भर दिवपाक संबंदीत यंत्रणांक आदेश दिले. मुख्यमंत्र्यान काल व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंग वरवीं संबंदीत अधिकाऱ्यांवांगडा बसका घेवन राज्यांतल्या सगळ्यां कोवीड कॅअर सेंटरांतल्या वेवस्थेचो नियाळ घेतलो. दोतोरांची सेवा, एम्बुलन्स, खाटांची वेवस्था, वैजकीय कोयराचो विल्हो, सुरक्षा आनी हेर सुविधांचो मुख्यमंत्र्यान नियाळ घेतलो. बसकेक उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती आर. मेनका आनी दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अजीत रॉय आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

कोरोना दुयेंसातल्यान बरे जाल्ल्या लोकांमदी सुमार एक हजार सरकारी कर्मचाऱ्यांचो आसपाव आसून जिल्हाधिकारी आनी हेर संबंदीत अधिकाऱ्यांनी वेगवेगळ्यां सरकारी खात्यांतल्या अशा कर्मचाऱ्यांकडेन संपर्क करून तांकां प्लाझ्मा दान करपाक फुडें येवपाक प्रोत्साहन दिवचे, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले. तशेंच अधिकाऱ्यांनी दुयेंतींच्या गैरसोयिकडेन बेगोबेग लक्ष दिवपाक सांगले.

दोनीय जिल्हाधिकाऱ्यांनी मुख्यमंत्र्याक आपल्या क्षेत्रातल्या कोवीड कॅअर सेंटरांतल्या वेवस्थेची म्हायती करून दिली.

बसकेक संदीप गावडे ( कळंगूट रेजिडन्सी ), लक्ष्मिकांत कुट्टीकर ( साई गर्ल्स हॉस्टेल ), प्रसाद वळवयकार (डॉ श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडिएम ), श्रीमती शमा आरोंदेकर ( पणजी रेजिडन्सी ), प्रविणजय पंडित ( केशव सेवा साधना, वाठादेव ), शंकर गांवकर ( एमपीटी हॉस्पिटल ), गौरव गांवकर ( मडगांव आनी कोलवा रेजिडन्सी ), रूझारियो कार्व्हालो ( इंडोर स्टेडिएम, फातोर्डा ), श्रीमती जान्वी कालेकर ( पीएचसी शिरोडा ), राजेश साखळकर ( जीईसी हॉस्टेल आनी मांडवी हॉस्टेल ) आनी कौशीक देसाय ( आयआयटी गोवा ) हे अधिकारी हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/435

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA